स्पन्दन

भास कोंकणी आवसु आमची। लिपि देवनागरी उडगासु दवराची।।

Date of Publication : 1st OCTOBER 2019

केरळ कोंकणी अकादमी

कोच्ची

धा रुपया

Happy Diwali

VINOD SWEETS

ANNELI ANGADI

8/1770,KOOVAPPADAM

PHONE:0484-2210755,9400997099

100% VEGETARIAN HOMILY FOOD

കൂവപ്പാടം - കൊച്ചി-2

KOOVAPPADAM - KOCHI-2

मुखेल संपादक
सुरेश ए. शेणै

कोशाधिकारि
के. विजयन

वाँगडी
प्रो. जी. मोहन राव
9446369771

न्यायोपदेशक
अड.वी.एन. वसन्त कुमार

प्रचार-प्रसार
टी. आर. सदानन्द भट

Layout by :
K. Santhosh
Mob : 9895212521

मुखचित्र : कोच्ची TDLP, TDGLP, TDHS हंगा जल्लेले कोंकणी मान्यता दिवस आघोषाचें एदीं चित्रें।
आभार - सुधीश एस. शेणै, एन. बालकृष्ण मल्या, कोच्ची

लेखनान्तुली मतां त्या त्या बरोवप्याचीं

प्रति - ₹ 10/-
वार्षीक - ₹ 100/-

स्पन्दन

प्रकाशन : केरळ कोंकणी अकादमी, कोच्ची

SPANDAN
Published by :
KERALA KONKANI ACADEMY
8/28, 'Santhery', 1st Floor,
Opp. M.S.C. Bank Ltd., Cherlai Road,
Cochin - 682 002. Mobile : 94477 35849
Email : keralakonkaniacademy@gmail.com

खंड : 8 अंक : 10 1941 आश्विन

संपादकीय

कोंकणी मान्यता दिवस - आगस्ट 20

कोंकणीक मान्यता मेळ्नु 27 वर्षं जल्लीं। अंदु मस्त कडे तरा-तरा कार्यक्रम जल्ले। सन्तोषाचि खबर।

अनि मुक्कारि "कोंकणीक लिपि अस्स वे ? की ना ? अस्स जल्यारि खंचि?" अस्सि सग्ग घेव्नु बेसूचे न्हय। सर्वांनीयि मुक्कारि सोर्नु, तो दीसु, सार्वजनिक रूपारि आघोषु कोर्कायीचि। चड-चड जनांक तंतु भागु घेवचे तस्सि कोर्नु हितोचित रीतीरि तो दीसु आचरण कोर्कायीचि।

* चेर्डुवांक मिठाई विर्कूयात। तंगेले काणियो, गीन्त, नृत्य इत्यादि कार्यक्रम दवोर्यात।

* म्हलगड्यांगेले कविसंगमं, चर्चा, मान-सन्मान इत्यादि कार्यक्रम कोर्यात।

* कोंकणी खाण-जेवण, आचार-विचार, सांस्कृतिक कार्यक्रम (नाटक-गानमेळा) इत्यादि जाव्येत।

* शोभायात्रा इत्याक नज्ज ?

सगटांक ते बगेक अस्सिलें मन्न अनि उत्साहु देवु दीवो म्होणु प्रार्थन कर्तायि।

|| जय कोंकणी ||

कोच्ची, 01-10-2019 सुरेश ए. शेणै, मुखेल संपादक.

Rajesh Achari
9048331177
VINAYAKA JEWELLERY WORKS
Cherlai bazar
Kochi - 682002

कोंकणी मान्यता दिवस - आगस्ट 20

कोच्ची ✤ तिरुमल देवस्वं एल.पी. अनि जी.एल.पी. स्कूळान्तु (दोन्नीयि स्कूळान्तु कोंकणी सिकेयतायि) कार्यक्रमु घडेय्लो। गीन्तु म्हणप, काणि संगप, करन्सी नोट्टांचेरि कोंकणी अस्सिलो विषयु मनांतु कोर्नु दीवप, नाटक, पुस्तक प्रदर्शिनि इत्यादि कार्यक्रम जल्ले। साळेंचि प्रधान अध्यापिका अनि कोंकणी अध्यापिका -एम.जी. गीता, सरस्वती एस. प्रभु अनि ज्योती आर. कम्मत, मञ्जुळा देवी एम. हन्नि नेतृत्व दिल्लें।

✤ तिरुमल देवस्वं हाईस्कूळान्तु संसदचि (Assembly) कोंकणी भाषेन तँ जल्लेले म्हळेले व्होडु सन्तोषु दित्ता। केरळ कोंकणी अकादमीन, कोच्चीचे TDLP अनि TDGLP स्कूळान्तु चारिचे क्लासान्तु कोंकणी विषयान्तु प्रथम एय्लेल्यांक प्रतिवर्ष दीवनु एंव्चे पारितोषिक अंदु (2019) कु. श्रिया वी. (TDLPS) अनि कु. शरतचन्द्रा आर. भट (TDGLPS) हंका दीव्नु सन्मान केल्ले। वेदीरि केरळ कोंकणी अकादमीचे पी. एन. कृष्णन (अध्यक्ष), टी. आर. सदानन्द भट् (उपाध्यक्ष), जी. मोहन रावु (मुख्य कार्यदर्शि), सुरेश ए. शेणै (स्पन्दन मुखेल संपादक) अनि TDHS तरपेन राजलक्ष्मी पी. बी. (उप प्रधान अध्यापिका) गीता के. एस. (अध्यापिका), दिनेश एन. पै (अध्यापक), सुधीश एस. शेणै (अध्यापक) अनि वेणुगोपाल के. पै (PTA अध्यक्ष) उपस्थित अस्सिलिं।

✤ सारस्वत असोसियेषन सभाघर :- हन्नीयि केरळ कोंकणी अकादमीयि एकमेळनु कार्यक्रमु घडेय्लो। अञ्जलि किणीले प्रार्थनानन्तर तिरुमल देवस्थानाचे मुख्य पुरोहित एल. कृष्ण भट हन्नि दिव्लि जोळोन्नु उद्घाटन केल्लें। अकादमी अध्यक्ष पी.एन. कृष्णन कार्यक्रमाचे अध्यक्ष अस्सिले। अ.भा.को. साहित्य सम्मेळनाचे मुर्तमले अध्यक्ष आर.एस. भास्कर हन्नि मुख्य भाषण दिल्लें। तदन्तर एल. सुब्रम्हण्यम, वा. लक्ष्मण प्रभु, एस. रामकृष्ण किणी, रघु किचेरकर, प्रकाशन, एन. सदानन्द कम्मत, सुशीला टी. भट, टी. उमेश भट हंगेलेयि उलोवप जल्लें। अकादमीचे मुख्य कार्यदर्शि जी. मोहन रावु हन्नि स्वागतयि, उपाध्यक्ष टी. आर. सदानन्द भट हन्नि कृतज्ञतायि संगीलें। मगीरि सुरेश ए, शैणे (स्पन्दन मासिकेचे मुखेल संपादक) हंगेले अध्यक्षतेरि कवि संगमयि जल्लें। हन्तु आर.एस. भास्कर, रघु किचेरकर, सुशीला टी.भट, के.एन. रमेश भट, एल. कृष्ण भट, श्रीकान्त एन. पै, एन. बालकृष्ण मल्या, अञ्जलि किणी, टी. उमेश भट, एन. सदानन्द कम्मत, गोश्रीपुरं हरिकुमार ह्या कवीनि वांटो घेवनु कविता सादर केल्यो।

With best compliments from :
Phone : 9037447147
We cater all events
Taste our Specials....
PIZZA DOSA AND ROYAL PANEER CURRY
Sarva's CAFE
Lunch Available
◆ PURE VEGETARIAN RESTAURANT ◆
T. D. East Sannidhi Road, Kochi - 682 002
Open : 7 a.m. - 11 p.m.

मंगळूर ✤ हम्पनकट्टाचे मांगळूर यूनिवर्सिटी कोळेजान्तु कोंकणी अध्ययन पीठ हन्नि कार्यक्रमु घडेय्लो। वाईस चान्सलरान अनि इतर मान्य व्यक्तियानि भागु घेतलो।

✤ 22-8-19, मंगळूरु :- कानरा काळेजान्तु कोंकणी भाषा विद्यार्थि मण्डल संस्थेन कार्यक्रमु घडेय्लो। कोंकणी सर्टिफिकेट कोर्साचे उद्घाटनय जल्लें खंय।

✤ 30-8-19, हॉटल उत्सव, मंगळूर :- कोंकणी भाषा मण्डल, कर्नाटक हन्नि ह्यो दीसु कोंकणी मान्यता दीसु मनायलो। कोंकणीन्तु एम.ए. अनि डिग्री कळेल्यांक आदरु केल्लो। बस्ति वामन शेणै (अध्यक्ष, विश्व कोंकणी केन्द्र) हन्नि उद्घाटन केल्लेले कार्यक्रमान्तु मुख्याथिति अस्सिले पॉळ मोरेस अनि नन्दगोपाल शेणै।

गोंय

✤ संस्कृती भवन, पाटो, पणजी :- गोवा कोंकणी अकादेमीन घडेय्लेले कार्यक्रमान्तु अकादेमीचे अध्यक्ष सुरेश आमोणकार अध्यक्ष अस्सिले। मुखेल वक्ते डॉ. हनुमंत चोपडेंकार अनि मुखेल सोयरे महाबळेश्वर सैल अस्सिले। 'सगळो बाजार' (कविता संग्रह) - डॉ. मनोहर राय सरदेसाय, 'तुज्या मोगा खातीर' (लिप्यांतर-विन्सी क्वाद्रूश), 'म्हज्या बाणावले गांवांत' (लिप्यांतर-हेमा नायक), 'कथा वर्तू राजाची रे' (संकलन-संपादन-डॉ. जयंती नायक), 'कोंकणी-हिन्दी शब्दकोश-भाग 1', 'बंद' 'तशेंच मुग्दानातल्लीं गीतां' (वल्ली क्वाद्रुश) आनी 'अनन्य 8-9' इत्यादि पुस्तकांचे प्रकाशनयि जल्लें।

✤ **कोंकणी साहित्यकार अतँ एक 'क्लिकाचेर'** : सहित प्रकाशनाचे वेवस्थापकी संपादक किशोर अर्जुन हन्नि konkanisahitya.com वेबसायटाचि निर्मिति केल्ली। हन्तु ज्ञानपीठ, सरस्वती सन्मान अनि साहित्य अकादेमी जैतवंत सगळे कोंकणी साहित्यकार अतँ एक क्लिकाचेर येतले खंय। ह्यें कोंकणीन अनि इंग्लीशान अस्तलें।

✤ 19, 20 आगस्ट 2019 गोंय विद्यापीठ :- गोंय विद्यापीठाचो कोंकणी विभाग, उच्च शिक्षण संचालनालय-गोंय सरकार, राजभास संचालनालय-गोंय सरकार, सरकारी कला, वाणिज्य आनी विज्ञान महाविद्यालय, सांखळी (गोंय) तशेंच बिहार हिन्दी साहित्य संमेलन, पटणा बिहार एकमेळनु आयोजित केल्लें दोनि दिसांचे राष्ट्रीय परिसंवाद 'कोंकणी-हिन्दी साहित्यांत भाव-प्रभाव : एक तुलनात्मक अध्ययन'

19-8-19 : गोंयचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हन्नि शेणै गोंयबाब कोंकणी संगणक (Computer) केन्द्राचें उद्घाटन केल्लें।

20-8-19 : 'सासाय' ह्या संशोधन पत्रिकेचे प्रकाशन जल्लें।

With best compliments from :

Prop : Dhivya
Mob : 8714156959

PRAJWAL FASHIONS

T.D. Shopping Complex, Thuravoor - 688 540

With best compliments from :

MEI

For all your requirement in Electro-Medical Equipment in the field of Psychiatry, Physical Medicine Alternate Medicine and Cardiology

Contact :

Mohan's Electronics & Illuminators

941/44, Parinamam Road, Kaloor, Kochi - 17
Phone : 0484 2530788 9847335788
E-mail : dasmohan60@gmail.com

Please visit our Website for full range of Products :
www.mohansmedico.com

AMBIS DISTRIBUTORS

CC. 8/1216, T. D. North Gate, Kochi - 2

Distributors of ELITE CAKES

Prop : R. KRISHNAKUMAR NAIK
Ph : 9388505339

Sister Concern :

AMBI'S RESTAURANT

CC. 8/1216 A, T. D. North Gate, Kochi - 2.

Morning : 8 a.m. to 11 a.m. Evening : 3.30 p.m. to 8.30 p.m.

സ്പെഷ്യൽ ഐറ്റംസ് :-
പോളെ - അഡ്സറാചെ, ഖർബസാചെ, ബജ്ജേജചെ, മസിംഗാപത്തിയെചെ,
കേബേജാചെ, നവ്ധാന്യാചെ
പുട്ട് - ഒർവ്വാചെ, ഗോവാചെ, ചെമ്പാ ഒർവ്വാചെ
ഉഡ്ദാ അപ്പെ, ബൺസ്, കേള്ളാ ഹൽവോ, ഹിട്ടു, പത്തർവോഡൊ.

With best compliments from :

Phone : 09947524933

asianpaints
colourworld

PAINTSHADES

N. H. Thuravoor P. O., Cherthala - 688 532

मनुष्या ! हे मनुष्या ! (1)

- सुरेश वी. शेणै, कोच्ची

मनुष्या ! हे मनुष्या !
अनि पुणि सोडिरे वैराग्य - तुक्का
सोणु तें वत्तरे सौभाग्य (मनुष्या)

आचारु चोयना - संस्कारु कॅळना
आत्मवञ्चन कोर्नु कांयि तुक्का मेळना
विरहदुःख संसारान्तु रे - तुज्जें
जीवित भोर्नु दुरित रे (2) (मनुष्या)

लेकिल्लें जायना - मग्गीलें मेळना
बान्धव तुग्गेलीं कोण तीं पावना
नित्य ती दुर्विधि मग्लान रे - तुज्जें
जीवित भोर्नु नैराश्य रे (2) (मनुष्या)

स्नेहु तो मेळना - बन्ध तें चोयना
धर्मु तो सोणु - खंयि तूं पावना
अष्टमराशीरि गुळिकु रे - तुज्जें
जीवित भोर्नु काळूकु रे (2) (मनुष्या)

केरळचे बरोवप्याँ लगी

केरळ कोंकणी अकादमी प्रतिवर्ष "पंडरीनाथ भुवनेन्द्र पुरस्कार" दीन्नु एत्तायि। 2019 चे पुरस्काराक लघु गद्य कृती पेटोन्नु दिंव्याक अपेक्षा करताय।

- केरळचे बरोवप्याँक तँ ये गद्य सर्त।
- काणी, नाटक, प्रबन्ध, यात्रा विवरण - इत्यादि 20 पन्ना पसी (20 Full scap papers) चड जंव्या नज्ज।
- पन्नाचे एक भागान मात्र बोरोंव्का।
- बरोवप्यालें नाँव, पत्तो आदी वेगळेचि पन्नार बोरोंन्नु कृती लगि दवोर्का।
- कृती मेळका जल्लेली अंतिम तारीक 2019 नवंबर 30.
- कृती देवनागरीन जांव्का बोरोंव्याक।
- पेटोन्नु दींव्का जल्लोलो पत्तो :- श्री. जी. मोहन रावु, सन्केतं, IX/1110 B, अजन्ता लेन, कोच्ची - 2. Phone : 0484-2229770

With best compliments from :

R. Venkateswara Pai
Mob : 9847200121
9656210695
Ph : 0484 2210695

KARTHIKA TIMBER TRADERS

Timber Merchants & Commision Agents
9/1006 (9/1004 B-New) Anakettu Parambu, Pandikudy Road, Cochin - 682 002
Ernakulam (Dist.), Kerala. E-mail : karthika_2008@vsnl.net

Suppliers & Manufacturers of Rubber Wood Packing Cases and Materials

संत कबीरदास दोहा -

एन. लक्ष्मण मल्या, कोच्ची

"सुमिरन सुरत लगाइते, मुख तें कछू न बोल।
बाहर के पट देइ के, अंतर के पट खोल।।"

कबीर सांगता, तूँ तुग्गेले मन्नांक परमात्मागेले स्मरणांक मेळेयी। तूँ तोंडान कायीं पणी उल्लोनाका। तूँ भायर्चो द्वार धांपी। तूँ इन्द्रियांची चंचल वृत्ति रब्बयी। तूँ भित्तरचो द्वार उघारें करी। अर्थु आत्माचो अनुभव करी।

हें तुमका कळता व्हे?

कोंकण्यांगेले आचार-विचार

- सुशीला त्रिविक्रम भट, कोच्ची

"हथांतु दवरप अनीक जेवण करप"

कोंकणी ब्राह्मण जनानी आचरण कोरनु एवंचे थोगडे संस्कारांतु उपेक्षा कोरूक जावनत्तिल्ली एक "चाली" तां "हथांतु दवरप" अनीक "जेवण करप" म्हळ्ळेली. विवाहु, उपनयन, सीमन्त, नामकरण, पळ्यांतु दवरप, बरसो, दायदीसु (जायदीसु) दन्तुंबर, कर्णवेध, चौळ इत्यादि कार्यक्रमान्तु ऊंच संगिल्ली चाली आचरण कोरनु येत्तायि।

हंतु "जेवण करप" म्हळ्ळेले विवाह, उपनयनाक सग्ग सकाणीच गणपती मुहूर्तु (उडदा मूर्तु) जल्ले नन्तर व्होरताक-व्होळ्याक, व्होकलेक-व्होळेक बेस्सोव्नु तोण्ड उष्टणाक पन्ना चोळक्यांचेरी पेंयदार, केळें इत्तेंय दोव्वोर्नु फडचाना वीड्यांतु नाणय दोव्वोर्नु हथांतु दोव्वोर्चें तां. व्होरताले, व्होकलेले बन्धु बांधवानी दयज्यानी (जायजीं) सग्ग जेवण कोरका म्हुण तां रीति. हांतूय प्रथम स्थान मवळ्याक (मम्माक) तां. ह्या जेवण कोरचे समयारीची थोगडीं जनां भंगार, जायें, कप्पड इत्यादी सग्ग पारितोषिक जावनु दित्तलीं. तुत्तूले लग्गीचीं बन्धु-बान्धव. *(शेष लगी अंकान्तु)*

3-9-19, पुन्नक्कल जं (एरणाकुळम) :- ओणाघोषाचे अनुबन्ध जाव्नु (एळमक्करा एन.एस.एस. करयोगं आभिमुख्यारि) "रावु मम्माले व्होराण" कोंकणी नाटक अस्सिलें।

25-8-19 तारा नगर सांखळेच्या शिवस्मृती खेडेकार सभाघर (गोंय) :- साहित्य मंथन सत्तरी संस्थेच्या वर्सुकीं दिसा निमतान गोंय कोंकणी अकादेमी पणजी एकमेळनु "कथा लेखन पद्दत आनी प्रक्रिया" ह्या विशयाचेरि एक दिसाची कार्यावळ जल्ली।

With best compliments from :

Phone : 2877682

ശുചിത്വത്തോടും
ഭക്ഷണത്തിന്

KAMMATH HOTEL

(VEGETARIAN ONLY)

ERAMALLOOR P. O.

विश्व मानव महोत्मजी-36

कृष्ण नारायण नायक, कोच्ची

"मातृभूमीचे मोचनाक"

गान्धीजीन विभावन केल्लेल्या समान संघर्ष खन्चे नेतान तेदोळ केल्लेले आसूना ! उतलेयि कूटनीतीन ब्रिटीषानी भारतीयांक पीडा किर्लायल्यारीयि मनोधर्मान निस्सहकार जंग मुकारि व्होरूक मार्गदर्शन दित्ताचि आयले। अन्याय तिरस्कार करौन आयले। प्रतिकार पेल्तान्तु ना। प्रयास तितलेयि क्षमेन सहन केल्ले। गूळ्या मुकारीयि हल्लूनत्तिले भीवनु शरण वोचूनत्तिलें अवगणन कोर्का जल्लेलें कोर्नु संग्राम व्यापक जावनु मुकारि व्हेलें। न्हंय जल्लेलें एक कालाक स्वीकार केल्लेना। बाधा प्रहार केदाण पेल्तान्तु केल्लेना, करैलेना। लक्षा लेकान जनानी अस्सि निस्सहकार मुकारि व्होरूकनिक नगर शहर चलन जीवन निश्चल जत्ताची आयलें। गोर्यांक चावि ताराटूक आळें गल्लें।

वाट विसोर्नु कोणेयि ब्रिटीष पुल्लीसाक सैनिकांक अंगारि हाथु केल्यारि, तो विवरु आयकील्यारि गान्धीजी अनुयायांक जाग्रत कर्ताले। ब्रिटीष जनतेकयि गान्धीजी चांग जावनु वळक्किलो अस्स। तन्चेरीयि मानुषिक भाव भावना आस। ते आज्ञा पालन कर्तायि, समरमुखावेले भारतीयांक मगल्यान सोरोवंचाक प्रयत्न काडताय तं। बल्लाव नेम आज्ञा तिरस्कार कोर्का म्हुण गान्धीजीलो पक्षु। ये वीक्षण ग्रहण कोरूक सान प्रायेचांक प्रयास दिस्तालो। त्या दर्शन समझूक मानसिक विकास तांका जत्तालो मात्र। श्रेष्ठ समीपन तं तें, जगान्तुले समुन्नत दर्शन, सर्व धर्म परमसार तें म्हुण वोगि ग्रहण जायना अस्सिलें। तांगतांगेले हिताक युक्त सग गुस्पावनु सजोवचिं पोकोळ नीति न्हय ती। अन्तरंगान्तु प्रार्थना कोर्नु आयले पसावत सर्वाहितकारि दृष्टिकोण आविष्कार कोरूक साध्य जत्तालें। भारत स्वतन्त्र जावंका सिवाय जनराशी महानाशान्तु सिर्कूका न्हय आवश्य म्हुण देकि दवर्ली। तस्सी स्वातंत्र्य भारतीयालें अवकाश म्हुण व्यक्त केल्लें। रक्तबंबाळ सबार नात्तिले नाश नष्ट सबार नातिलें स्वातंत्र्य जोडूक वाट।

सुदीर्घ संग्राम उव्वार सरि फौरेलें। एदे जाणाक प्रतीक्षा भंग आयलें स्वाभाविकचि। हाथान्तु मेळेलें ते वोगि सोडित वे ? समृद्ध सर्वसम्पूर्ण देश सोणु दींवका म्हुण सायबांक अठौंचेचि चुरचुरेतालें, तुणतुणेतालें !

With best compliments from :

imc The Complete Digital Store
International Marketing Co.

39/4755 A, IMC Tower, Madhavan Nair Road,
Ravipuram Jn., Ernakulam, Cochin - 16.
Tel : 0484-4135000,4135001, 3018068,
3018067, 3018070, 3018069, 2374820
Fax : 0484 2374820
E-mail : imc@asianetonline.net

AUTHORISED DISTRIBUTOR FOR DELL AND SONY
Dealers in Computers, Peripherals, Network Solutions

With best compliments from : **Phone : 9847275478**

COCHIN VINYLS

8/1813, Town Hall Road, Koovappadom, Cochin - 2.

Mfrs. of : POLYTHENE BAGS, SHEETS, COLOUR TUBINGS, L. D. GROCERY COVERS, BLACK GARBAGE BAGS (1ST QUALITY), H. M. GROCERY COVERS, H.M. SILKY SHEETS & L. D. RUBBER RAINGUARDING SHEETS

सुभाषित

प्रो. के.एन.आर.भट
कोच्ची

"औरसं कृतसम्बन्धं तथा वंशक्रमागतम्।
रक्षितं व्यसनेभ्यश्च मित्रं ज्ञेयं चतुर्विधम्।।"

रक्तबन्धा निमित्त, विवाहादि केल्लेले वट्टेन बन्धुत्व झोडलेले, वंशावली निमित्त (सुत्कल संबन्धु अस्चे) बन्धुत्व असचे, त्याचि प्रमाणि अपण्याक व्यसन कालारि ना आपत्कालारि सहाय हस्त प्रदान केल्लेले, अस्सि चार तराचे मित्र एक मनशाक जीवनान्तु अस्सयि म्हणु जाण जांका।

ते गणाचे मनशँयि जाव्नु सदा संपर्कु, चांग सुहृद्बन्ध, तसीचि तंका अगत्य पडतना, तत्री निंवगूनत्तिल्लेचि सहायु करप इत्यादिक कायर्यान्तु सदा जागरूक अस्सूका। कारण, अपण्याले कष्टकालारि सहायाक तींचि तॅ पंवतलिं म्हणु उडगासु अस्सूका।

कोंकणी खबरेक चोय्यायि/पळेयात : facebook - कोंकणी केन्द्र-गोश्रीपुर

कोंकणी शब्द अर्थ-अनेकार्थ

- नागेष अण्वेकर, कारवार

नाख कुडको - वजन
नाखा नाद - बायलकरो, स्त्रीमोगि
नाख दीग - धिमाकपण, गर्व
नाख चपले - मानहानि, मानचिन्न
नाख घासलो - शरणागति, विधेयता
नाखा दान्हो - मूगूति नत्तु

चेर्डुवांलि चित्रँ



कु. प्रियंका पी. पै (10) । नई दिल्ली के.एन. प्रकाश पै अनि विजयलक्ष्मी हांगेलि सुपुत्रि।

With best compliments from :

Prop : M. Vinod Kamath
Mob : 97445 34426

ASHIRWAD TEA SHOP

Vegetarian

Opp. Syndicate Bank, North Cherlai, Kochi - 682 002.

With best compliments from :

Prithvinatha Pai
Mob : 9746830015

MASTER FOODS

Pai's Home Products, Aluva

Anything..... Anywhere..... Anytime....

माते तुक्का कोटि वन्दन

- एन. माधव रावु, कोच्ची

माते तुक्का कोटि वन्दन
तूंवे दिल्लो जन्मु मक्का।
तुजे पोटान्तु धा मासाक
दिल्लो तूंवे वासु मक्का।।
तूंवे खांवचे आहाराचे
चिम्टि दिल्ले, मक्का तूंवे।
उदरारि हांवे दिल्लेले मुस्तप
घेवनूयी तूंवे केल्लो मोगु मक्का।।
पोटान्तु हांव अस्तना तूंवे
मक्कायि व्हाव्नु हुभोरु तण्डीलो।
ये रीण सोरचिना जन्मान्तर गेल्यारीयि
हांव हजो रीणेली, क्षम पांवका मिजेरि।।
मिजे मल मूत्र भोर्नु
फूट केल्लो मक्का तूंवे।
अन्न वस्त्र विद्या बुद्धी
सग मक्का तूंवे दिल्लें।।
"माता पिता गुरु दैवम्"
ऋषींगेले ये धर्म वचन।
प्रथम स्थान मातेक म्होणु
तन्नी स्थापित केल्लें ये वचनान।।

सूरदास भजन

- के. अनन्त भट, कोच्ची

दोळे जाले अनाथ आमगेले।
मदन गोपाल थँय थाव्नु हे सखी,
आयकूनु दूरा गेले।।
ते हरि जल आमी मीन पाप हीं,
कशि जीवित वरलेले।
आमी चातक चकोर श्यामु मेघ,
वदन अमृत मोगालें।।
मधुवनांतु राबून दर्शना आशा,
वाट चोव्नु दोळे हारवलेले।
सूर श्यामु प्रियाली ही करणी,
मेलेल्याकयि ते मारलेले।।

"भांगरभूंय" कोंकणी दिनपत्र
वच्चायि ओणलैनः
epaper.thegoan.net

आत्मीय

'साधना' कोर्चे दृष्टीन चोयल्यारि, सगुण ब्रह्म 'उपासना'चो विषयु अनि निर्गुण ब्रह्म 'ज्ञान'चो।

With best compliments from :

Phone : 0488 2432666

Mallaya Jewellers

Ipe Building,
OTTUPARA (THRICHUR DIST.)

With best compliments from :
Mrs. Sangeetha

Mob : 99478 69100
88480 27976

KIDS CARE
(SINCE 2001)
PLAY SCHOOL & DAY CARE
Indira Road, Thoppumpady, Kochi - 682 005

Class Time : 8.00 a.m. to 6.00 p.m.

सोस्सोयि कासोवूयि

- वसन्तकुमारी पी. एस., कोच्ची

एक दीसु अम्गेले सोस्याक एक खोट्टूळ भोर्नु जम्बूळ मेळळें। कसवाक जम्बूळ चांग प्रीति तं। सोस्सो जम्बूळा खोट्टूळयि घेव्नु नदी तीरारि कसवा लगि गेल्लो।

थंगा जम्बूळयि खावनु रसपति उल्लोव्नु बेस्सले वेळारि मगल्यांचान सिंहु एयलोलो दोग्गानीयि दिक्किलेना। सिंहान सोस्याचे कन्नांक धोर्नु उच्चालों। "आजि हाँव तुक्का सूप कोर्नु पित्तोलो।" म्होणु संगिल्लेयि, कसवान संगीले, "तक्का खश्शी, तक्का कुष्ट रोगु तं ! अप्पळ्यारि यजमानाकयि रोगु लगतोलो !" म्होणु। सूचना मॅनां जाव्नु सोस्यान हत्तान्तु अस्सिल्ले जम्बूळ चिर्डनु देहाक हंगा थंगा लायलें।

सिंहान सोस्याक खाल उड्डेय्लो। चोंव्वानीक तगेले अंगाक नीळ नीळ पाड। सोस्सो संगता, "यजमाना, मक्का धरारि खा ! ये वृणा दुक्की सहन कोर्नु कोर्नु मक्का पूरो जल्लें। मिज्जेरि दया करी यजमाना !" सोस्याले दीन जाव्नस्सिल्ले उत्तरयि लगि अयकूचानीक सिंहु नदीन्तु देव्नु हाथ पाय चांग कोर्नु घस्सूनु धूव्नु ऊंच चोणु एकु धांवु दिल्लो। तश्शि कसवाले समयोचित जावनस्सिले उत्तरांचे खत्तीरि सोस्सो सिंहाचे तोण्णान्तु थकूनु वंच्चोलो।

अम्का चांग आत्मार्थता अस्सिले सुहृत जांका म्होणु संगतायि ये खत्तीरि तं।

आळें (കടങ്കഥ / Riddles)

"चन्दु तो (सुन्दरु तो)...
न्हाणेय्लोलोचि खोरोजु
एय्ली"

हम्पोळु

25-8-19 टी.वी. रमण पै कन्वेन्शन हाल, मंगळूरु :- कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतिष्ठान अनि विश्व कोंकणी विध्यार्थी वेतन निधी एकमेळनु "दशमानोत्सव संभ्रम आनी विद्यार्थी वेतन (Scholarship) वितरण सुवाळो" घडोव्नु हळ्ळो।

With best compliments from :
BHATT'S TIFFIN BOX
PURE VEGETARIAN
R. G. Pai Road, Kochi - 682 002.

Mob : 9846048094
9037901749
9037898519
9995215792

7.30 - 11.a.m	4.30 - 9.30 p. m.
Puttu-Kadala Iddly- Sambhar Vada-Chatni Poori - Masala Idiyappam	Battura, Dosa Items, Parotta & Chinese Food Items etc...

चवळि मुग्गा खीरि

बायलाँ खातिर (ददल्यांकय) - उषा आर. भट, हैदराबाद

सामग्री

1. सुक्कि चवळि	- 250 ग्रां	7. सुण्टीची पुड्डि	- ½ चिपट
2. मूगु	- 250 ग्रां	8. कज्जूबीये धॅळकँ	- 20
3. नार्लु	- 2	9. नर्लेल	- 1 चिपट
4. गोड	- 1 कि.	10. सुक्कें द्राक्ष ना किसमिस	- 20
5. तूप	- 100 ग्रां		
6. एळु (पुड्डि केल्लोलो)	- ½ चिपट	11. हल्दी पुड्डि	- ½ चिपट

चवळि अनि मूगु विंग-विंगड, भज्जूनु काणु, वन्नान्तु (Mixie) घाल्नु, धळकँ कोर्नु दव्वर्का। दाट अयदनान्तु एक पॅडि उद्दाक* खतखताव्नु तन्तु हल्दी पुड्डि अनि नर्लेल रक्कौंका। चांग प्रमाणि खतखोतो एव्नु उण्डाळेतना मुग्गाची अनि चवळेचीं धळकँ घालनु सिज्जोंव्का। उणे तूप अनि सुण्टी पुड्डी मिश्रण कोर्का। गोड्डयि घाल्नु मिश्रण कोर्का।

नार्लु कन्तूनु, सोय्येचो दोनि फन्ता रसु काडका। दुस्सरचो रसु खतखतेंव्चे मिश्रणांतु रक्कोव्नु, पुनः खतखताव्नु रणनीरि थकूनु खाल काडका। नर्लाचो प्रथमलो रसु रक्कोव्नु खीरोंव्का। कज्जूबीये धळकँ अनि द्राक्ष तुप्पान्तु भज्जूनु तन्तु घालका। ऍळा पुड्डीयि वॅयरि फप्पूडका।

* फ्रट उदका बदलाक, सोय्येचो तिसरो रसु घलचें तॅ उत्तम।

चौपदी

- एन. सदानन्द कम्मत, कोच्ची

पुसलो उदकान्तुलो बोरो
पुस्तलो पागरावेलो बोरो
पुस्सूयात पुस्तकावेलो बोरो
जल्यार,
पुस्सूक जाव्ना मू कपला बोरो !!!

अमृता विश्व विद्या पीठं (कोच्ची काम्पस) हंगेले बी.कोम (Programme in Taxation and Finance) - 2019 न्तु प्रथम रांक अनि स्वर्ण पतक प्राप्त केल्लेलि अमृता जे. कम्मत। कोच्चीचे जगदीश एस. कम्मत अनि प्रीता हंगेलि सुपुत्रि।

With best compliments from :

Phone : 0484 - 2381342
Mob : 98470 56521

Proprietor :
Sivaram B. Prabhu

PRABHU'S Banana

Wholesale Banana Merchant

Basin Road, Ernakulam, Kochi - 682 035

With best compliments from :
V. Sreenivasa Prabhu
Phone : 9995157127, 7907310295
PATANJALI
Himalaya
Prabhu's Stores
8/455, South Cherlai, Cochin - 2
PRODUCTS:
Patanjali
Sri sri
Himalaya
Banjaras
Sreedhareeyam
Kaytra
Strategi
Off. Stationery
School Stationery
Account Books

रस्पति - आर. के. प्रकाश, पब्बूर

Dr. P. N. N. सिंह
डॉ. प्रश्नु ना नरसिंह
SSLC, PDC, BSc., MBBS (3 times)

वालमुरळी : डॉक्टर माम, मत्यारि एक केसु सरि ना। मम्मूटी वरि केसु मक्का जांका। वखद इत्तेंय ?

डॉक्टर : प्रश्नु ना, विग विकूचे अंगडीन्तु गेल्यार पूरो। मम्मूटी, लालु कोणाले जाल्यारिय मेळतलें।

* * * *

चन्द्रु : डॉक्टर मामु, मेगेली बायल शक्कु, केन्नाय मोबैलान्तु चाटिंग-चीटिंग सग तं। रबोव्वाक वखद इत्तेंय ?

डॉक्टर : प्रश्नु ना, तुगेलि बायल नवे ती। तू सांगल्यारि तसी करतलि मू। मगीरि इत्तें?

चन्द्रु : ती सांगता अदमच मजेलगि राबोव्वाक। तें जाव्नु ती रबेय्न खंय। मेजान तें राबोव्वाक असाध्य तं डाक्टरमाम !

परणी म्हुण्णी (गोंय)

- श्रीदेवी सुरेश प्रभु, कोच्ची

- वारें येत्ता तशें सूप धरप।
- माकडा हातान कोलती।
- खणटल्याक पेज आनी
  न्हिदतल्याक शीत।
- भुक्केक लज्जा ना,
  निदेक मर्यादा ना।
- तूस कांडून हाताक
  फोड काडप।

अखिल्लि रस्पति

चेर्डु - अगे, नीद एना गे ! एक काणि सांग !

आवसु - मक्कायि एना रे ! बप्पा तुझो अनिकय पावलोना।

एनाफडे निंवगूयां इत्याक तोडोवु जल्लो म्होणु।

तवळि आयकुयात मस्त काणियो !

With best compliments from :
Sree Balaji Curtains
N. Cherlai, Kochi - 2. www.keralaspicy.com
Mob : 9745201545, 9645001545 Office : 3068255
durofle
Sullex
Kurl-on
Curtain works, Upholstery works, Blains works, Bamboo Curtains & All kinds of furnishing works, Aluminium Fabrication, Sintex works, Mosquito Netlon works

With best compliments from :

Phone : 2384678, 3042529
Res : 2371326
Mob : 98953 00868

VASUDEV AGENCIES

40/8740, T. D. East Sannidhi Road, Ernakulam, Kochi - 682 035

GI Fittings, CP Bathroom Fittings, GM Valves & Cocks, PVC Pipes, PVC Valves, Pipe Fittings

हरि स्मरण

- कु. अञ्जली किणी, कोच्ची

करि हरि स्मरण रे
तोचि तुक्का शरण
प्रतिदिन प्रति/क्षण
व्हर तजेरि तू मन।

ह्ये जगाचे आधार हरि
जीवनाचे सार हरि
जीवाचे उद्धार हरि
प्राणाचे वार हरि
करि हरि स्मरण
धरि श्री चरण।

मोहाचे कारण हरि
मायाचे तरण हरि
श्री हरीले चरणारि
जीवन अर्पण करि
करि हरि स्मरण
तेंचि तुजे आभरण।।

दूरदर्शन केरळम (मलयाळम) "सुदिनं" कार्यक्रमु :- 14-8-19 एस. रामकृष्ण किणि हंगेले "रामायण विशेषं" विषयारि, 20-8-19 पय्यन्नूर रमेश पै हंगेले "कोंकणी मान्यता दिवस" विषयारि अभिमुख अस्सिले।

कोंकणी - മലയാളം - English

- शैलेष कम्मत. एम., कोच्ची

लक्कप - ആടിയാടി നടക്കുക - to stagger
हुम्मेवप - വിയർക്കുക - to perspire
गळबळेवप - (നാക്ക്) ഇടറുക - to falter
घुस्मुटेवप - ശ്വാസം മുട്ടുക - to be suffocated
विडविडेवप - വേദന കൊണ്ട് പുളയുക/ പിടയുക - to squirm / to wriggle
होव्को ताणप - അന്ത്യശ്വാസം വലിക്കുക - taking last breath (with difficulty)

- यु. के. पै, पुत्तूर

विशेष सन्मान

गांव फुट केलेले खातिर
डुकराक जाले सन्मानु.
न्हावचे खातिर दिल्ले खंयि
अर्ध डजन साबूनु.

*

With best compliments from :

PRASAD S.
Mob : 98476 75125

VASANTHA JEWELLERY WORKS

Cherlai Bazar Road, Kochi - 682 002.
We undertake Gold 916 and Silver Ornaments

ശുദ്ധമായ വെള്ളിയിൽ തീർത്ത വഴിപാട് സാധനങ്ങൾ ലഭ്യമാണ്.

എല്ലാവിധ സ്വർണ്ണം, വെള്ളി ആഭരണങ്ങൾ പണിതുകൊടുക്കുന്ന കൊച്ചിയിലെ വിശ്വസ്ത സ്ഥാപനം. ഓർഡർ പ്രകാരം ജന്മനക്ഷത്ര കല്ലുകൾ, ലക്കി സ്റ്റോൺസ്, ക്രിസ്റ്റൽ, പേൾസ്, കോറൽസ് എന്നിവ ലഭ്യമാണ്.

With best compliments from :



NAIK DISTRIBUTORS

(PHARMACEUTICALS)

45/283, Kuthappady Road,
Thammanam, Ernakulam,
Kochi - 682 032

Phone : 0484 - 2337506
2346098
2753030

Email : naikdistributors.pharma@gmail.com

വിദേശത്തും സ്വദേശത്തും ഉയർന്ന ശമ്പളത്തോടു കൂടി ഉള്ള
ഒരു ജോലി ആണോ നിങ്ങളുടെ സ്വപ്നം
A2Z SINCE 1979
INSTITUTE OF HEAVY EQUIPMENTS, KOCHI
85900 85591
NEAR OLD HARBOUR BRIDGE, WELLINGTON ISLAND, CIFT JN, KOCHI - 29

संत केशवदासालि
हितोपदेश कथा - 50

प्रो. वी. शिवानन्द भट,
पंचाब्जपुरम

पाण्डुरंगान शिवाजीक राकलो

एकादशी समयारि पूना नगरान्तुले एक पाण्डुरंग मन्दिरान्तु सन्त तुकाराम कीर्तन सेवा करतालो। तुकारामालें कीर्तन अयकूक हिन्दु राजा शिवाजी अनी सैनिक मन्दिरान्तु पावले। भारताचे मुगल सम्राट औरंगज़ेबान हें जाण जाव्नु शिवाजीक अनी तागेले सैनिकांक धोरूक निज सैन्य पेटेयलें। तुकाराम कीर्तन करता आसताना मुगल-सेनान खड्ग काणु मन्दिरान्तु प्रवेश केल्लो। उणे भक्तानि तुकारामालगि कीर्तन राबोंवचाक सांगलें। तुकारामान सांगलें, "आमचें मत्तें भेतल्यारीयि देह कुटकुटी जल्यारीयि पाण्डुरंग-मन्दिरान्तु थकूनु कोणेयिं भायर वचाक पाणा। देवालें पावन नामस्मरण करता राबा।" सन्त तुकारामान विट्ठलाक संबोधन कोरनु सांगलें, "कलियुगान्तु उल्लोंवचे देवा ! तूं कित्या मौन राबला ? हे ब्रह्माण्ड-जीवना, शिवाजीक अनी सैनिकांक राक ! तूं मेगेलें भूत, वर्तमान अनी भविष्य ! तूंचि मेगेलें सर्वस्व ! तोडोवु करशी, तुकारामाले उल्याक उत्तर दी !"

निज भक्तालें उत्तर प्रमाणित कोरुक दयालु पाण्डुरंगान शिवाजीलें रूप घेतलें अनी घोड्यारि बेसून धावनु भायर वत्ता म्हणु मुगल सैन्याक दिसचेवरि केल्लें। एक वनान्तु पॉउं भित्तेरि सैनिक ते शिवाजीले मगल्यान गेल्ले। तो शिवाजीरूपी पाण्डुरंगु तांका वनान्तु सोणु वापस मन्दिरान्तु पावलो। एक निळूचि प्रकाशु येव्नु विट्ठलमूर्तीन्तु विलीन जाता तुकारामान दिकलें अनी तुकारामालें कीर्तन अयकूनु पाण्डुरंगु राबूनु नांचता दिकलें। "हे विट्ठला, तूं कितलो दयालु ! शिवाजीले वेषान तूंवें 'भक्तरक्षक' नामाचि निज उपाधि राकली ! तुका प्रणाम !!!"

तुकारामान शिवाजीक अनी सर्व भक्तांक पाण्डुरंग-दर्शनाचें अपूर्व भाग्य दिल्लें। ▧

With best compliments from :
Phone : 0484 2227200
Mob : 09895947200
എല്ലാവിധ റെഡിമെയ്ഡ്
വസ്ത്രങ്ങൾക്കും
ഒരു വിശ്വസ്ത സ്ഥാപനം
Shradha
All Kind of Readymades, Sarees & Handloom
ചെറളായി ബസാർ,
പാലസ് റോഡ്,
കൊച്ചി - 2

टी. डी. हाईस्कूळाचे देरलान्तु

- विलासिनी एन. नायक, कोच्ची

भरल्यांय विद्यार्थि ये दरलान्तु
हर्ष जत्ता दिक्कूनु तें मनांतु;
रबील्या अत्तँ ये शताब्दी मण्डपांतु,
सेण्डूनु स्वबालपणाचे चिन्तेंतु.

हथाक हाथ धोरनु शाळेंतु अयिले,
निष्कळंक मनान अम्मि सिक्किल्ले;
दीस ते अंवगेले भारि संतोषाचे
खंचे पोडीन अत्तँ अम्मि मोवचें.

एक एक वर्षयँ सिक्केय्लेले,
ते गुरुनाथ अंवगेले मोगाचे;
तन्नि दिल्लेले शिक्षणेन जंवचें,
"धन्य जीवन" यें लक्ष्य अम्मि धोरचें.

परस्पर ना कसॅलोय विद्वेषु,
सोद्दून भोंवनी कोणालोय दोषु,
स्कूळान्तु जंवचो कसॅलोय घोषु,
मनान्तु सदा दिस्तालो आघोषु.

खुशी ती अंवगेलि कोणे व्हेल्ली ?
खंय सग्ग सोद्दनु अम्मि भोंवलीं ?
निर्मल ये चेरडुवांली वाणी,
उडगासु हडता अंवचीचि परणि काणि.

(1987 न्तु टी. डी. हाईस्कूळाचि शताब्दि अनुबन्ध जान्नु बरेय्लेली)

कार्तिक व्रत

- टी. उमेश भट, कोच्ची

कार्तिक मासान्तु फन्त्यारि उटांवका
रंगोलि बरोवंका पंजिरें लंबोवंका
भक्तीन तुळसीक उद्दाक घालका
फूल दवोनु वन्दन कोर्का।

श्री लक्ष्मी रमणाक शरण पावंका
पत्तिंजागरणाचें दरिशन घेवंका
हरि भजन अम्मि भक्तीन म्होण्का
ईश्वर चिन्ता सदा मनान्तु जावंका।

दिवाळे दिवसाक दीवो दकोवंका
चेर्डुवांले दृष्टि दोष दूर कोर्का
गोडसाणि दिवंचाक फोवु कल्लोंका
म्हलगड्यानि चेर्डुवांक अनुग्रह कोर्का।

10-9-19 क टूरिसम वाराघोषानुबन्ध जान्नु पळ्ळूर (कोच्ची) घडेय्लेले "लावण्यम 2019" कार्यक्रमान्तु पी.आर. हरीन्द्र शर्मा हन्नि रचना केल्लेले कोंकणी गज़ल बिन्दु जयप्रकाशान प्रस्तुत केल्लें। (12.9.19 क डि.डि. मलयाळम खबर्यां मद्धें हज्जि एक झळक दकेय्ली।) थंगाचि तेद्दूस "कोंकणी संन्ध्या" कार्यक्रमान्तु गोश्री कला संघ हंगेले नृत्ययि अस्सिलें।

एक प्रयोजनप्रद कोंकणी वेबसैट :
konkaniwordnet.unigoa.ac.in

With best compliments from :
ॐ नमो वेंकटेशाय
N. K. BHAT
NAGPUR
Mob : 9423565083
'जीएसबी कोंकणी समग्र विश्वकोश'
Please visit the website www.gsbkonkanipedia.org

With Best Compliments from

A WELL WISHER

KOCHI - 2

Reg. No. KERKON/2012/45527
Registered KL/EKM/732/2018-20
Vol. No. 8 Issue No. 10
Licence No. KL/CR/EKM/WPP-22/2018-20
Rs. 10/- No of Pages: 20 **SPANDAN** Licensed to Post Without Prepayment
Published by : KERALA KONKANI ACADEMY, KOCHI
Date of Posting 10. 10. 2019

Always, LOWEST PRICE . BEST BRANDS . BEST SERVICE . GENUINE OFFERS . GENUINE PRIZES

Pai Mobiles

Pai INTERNATIONAL

Pai DIGITAL

With Best Compliments

Pai International: Bangalore, Mangalore, Udupi, Hassan, Chikkamagaluru, Chitradurga, Kundapura, Bhattkal, Shivamogga, Hubli, Belgaum, Hyderabad

Pai Mobiles: Bangalore, Mandya, Mysore, Hyderabad

Pai Digital: Bangalore

Service / Helpline: 080-42464343

Printed and published by Suresh A. Shenoi on behalf of Kerala Konkani Academy and
Printed at M/s. Prakash Process, Srinivasa Mallan Road, Ernakulam, Kochi - 682 035, Ph: 2350960 and
Published at 8/28, Santheri, 1st Floor, Opp. M.S.C. Bank Ltd., Cherlai Road, Kochi - 682 002. Editor - Suresh A. Shenoi